Akashvani Panaji

Regional news

7.25 am 20th July 2025

केंद्रिय अक्षय उर्जा राज्य मंत्री तशेंच  उत्तर गोंयचे खासदार श्रीपाद नायक हांणी खासदार निदीतल्यान आयज 3 दिव्यागं व्यक्तींक तीन चाकी मोटरसायकली दिल्यो.तशेंच साखळे आमोणेच्या विठ्ठल रखुमाई मंदिराक स्पीकर सेट दिल्या.खासदार निदीतल्यान आजवेर  12 दिव्यांग  व्यक्तींक अशा पध्दतीच्यो तीन चाकी मोटरसायकली दिल्यात. हे शिवाय  सोलर स्ट्रीट लायट,तीन शाळांक  बस, हे  शिवाय कांय पंचायतीनी कोयरा एकठाय करपाक गाडी दिवची अशी मागणी केल्या, ही मागणी विचाराधीन आसा, हे शिवाय शाळांक  झेरोक्स मशिन खासदार निदीतल्यान दिल्या. हे शिवाय  मसुंड भुंय, कम्युनिटी हॉल,  बांधपाचे काम सुरु जाला. आपल्या ह्या कारृकीर्दीत  कमीत कमी 50 तरी कामा खासदार निदीतल्यान करपाची मोख आपणे दवरला अशी म्हायती ह्यावेळार  श्रीपाद नायक हांणी दिल्या.

---

गोंय हस्तकला म्हामंडळ हांणी पणजेच्या पुलीस मुख्यालयाच्या समोर आशिल्ल्या तांच्या अपरांन्त मांण्ड एम्पोरियमांत.ह्यो राखयो 21 जुलय  सावन विकपाखातीर उपलब्ध आसतल्यो.. पर्यावरणपुरक तशंच पारंपारीक हस्तकलेची जतनुक करच्या हेतान गोंय हस्तकला म्हामंडळान हो तुस्त करपासारखो उपक्रम चालीक लायला.

---

उच्च माध्यमीक वा म्हाविद्यालय पांवड्यार 'विद्यार्थी स्वयंसेवक' म्हूण राष्ट्रीय सेवा येवजणेंत बरी कामगिरी केल्ल्या आनी आतां सरकारी वा हेर क्षेत्रांत उंचेल्या पदांचेर काम करपी नागरिकांविशीं म्हायती एकठांय करपाचो वावर सुरू जाला. राष्ट्रीय सेवा येवजण खात्याच्या महाराष्ट्र आनी गोंय विभागीय संचालकांनी ही म्हायती दिल्या.  उच्च माध्यमीक वा कॉलेजीच्या पांवड्यार राष्ट्रीय सेवा येवजणेचो स्वयंसेवक म्हणून काम करतना फकत देशाची सेवा करपाक प्रेरीत आशिल्ले विद्यार्थीच  मुखार वतात आनी उपरांत आपल्या नोकरेत वा वेवसायांत प्रामाणीकपणान काम करतात आनी थंयच राष्ट्र सेवा येता. अशा राष्ट्रीय सेवा येवजणेच्या स्वयंसेवकांची देशभरांतली म्हायती एकठांय करपाचें काम हातांत घेतलां अशें तांणी सांगलां. गोंय राज्यातल्या म्हाविद्यालयांचे प्राचार्य आनी उच्च माध्यमिक विद्यालयाच्या प्राचार्यांनी राज्यातल्या राष्ट्रीय सेवा येवजणेच्या माजी स्वयंसेवकांची म्हायती प्रादेशिक संचालकांक धाडची अशें ह्या विशिंच्या खबरेंत म्हळां

---

---

पर्यावरण संवर्धन आनी थळाव्या लोकांक अािर्थीक येणावळ अशे दोन हेतू नदरेमुखार दवरुन गोंय रान उदरगत म्हामंडळान दक्षिण गोंयच्या साश्टींत काजूची लागवड व्हड प्रमाणांत हातांत घेतल्या. या माेहिमेची सुरुवात आयज वेळळेच्या बाराडी ह्या गावांतल्यान सुरुवात जाली. ह्या मोहिमेसकल ह्या गावात सुमार एक हजार काजू रोपांची लागवड केल्या. साश्टींतल्या वेळ्ळी सयत करमणे, चिचोणे, बेतालभाटी, वार्का, केळशी आनी माजोड्डे ह्या सात गांवांनी अशी लागवड करतले अशी म्हायती म्हामंडळाचे व्यवस्थापकीय संचालक नंदकुमार परब हांणी दिली. ही मोहीम गोंय रान उदरगत म्हामंडळाच्यो अध्यक्ष आनी पर्येच्यो आमदार डॉ. देविया राणे हांच्या मार्गदर्शनाखाला हातात घेतिल्ली आसून फुडल्या धा दिसांत साश्टींतल्या हेर स पंचायत वाठारांनी ही मोहीम चालीक लायतले अशी म्हायती परब हांणी दिली. थळावे सरपंच आनी पंचाकडल्यान हे मोहिमेक बरो प्रतिसाद मेळटा. गावच्या लोकांनी ह्या मोहिमेक आदार दिवचो असो उलाे परब हांणी मारलो.

14-17 ऑगस्ट ह्या काळात पणजे जावपी गोंय राज्य चित्रपट महोत्सवाच्या फांटभुयेरं गोंय मनरिजवण संस्थेन 48 वराभितर लघुपट तयार करपाची आगळी वेगळी सर्त ह्या महोत्सवात आयोजित केला. 2 ऑगस्टाक सकाळी 10 वराचेंर लघुपटाखातीर गोंय मनरिजवण संस्था कार्यालायत विशय दितले, जाल्यार हो ळगुपट 4 ऑगस्टाक सकाळी 10 मेरेन लघुपट निर्मात्यान गोंय मनरिजवण संस्थेकडे दिवचो पडटलो

---

गोय  वेधशाळेनं नोंद केलेल्या प्रमाण आयज उण्यात उणे तापमान २६ अंश सिलसिस असू येत आणि चडांत चाड तापमान २९ अंश सिलसिस असू येत. आयज दक्षिण आणि उत्तर गोयांत माध्यम पावस पदपाची शक्यताय आसा .

---

बायला कुस्तींत  हंगेरींतल्या बुडापेस्टांत चालू आशिल्ल्या पोल्याक इमरे वर्गा जानोस मेमोरियल ह्या  चवथ्या क्रमांकाच्या मालिकेंत -  भारतीय बायलां पंगडानी  काल रुप्या आनी कांस्य पदक जिकंले